गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

जायरात क्रमांक . 11 वर्स 2022

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 25. 11. 2022 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो सुचोवण्यो जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "**सुचोवण्यांत**" नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

I. कार्मीक खातें

मामलतदार/जोड – मामलतदार/दक्षता अधिकारी (Mamlatdar/Jt- Mamlatdar/ vigilance Officer) ..... 14 पदां (08 - पदां अनारक्षीत, 04 - पदां हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत, 1 – पद अनुसुचीत जाती खातीर आरक्षीत, 1 पद अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्यांक (ईडब्ल्यूएॅस) खातीर आरक्षीत) 14 पदांतलीं 1 पद शारिरीक दिव्यांगत्व आशिल्ल्यां खातीर आरक्षीत (भेरो आनी आयकुपाची विकलांगताय)

वेतन श्रेणीः मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें) **पिरायः** 45 वर्सां परस उणी.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :

आवश्यक – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदवी ii) स्तानीक महसूल कायदे, कायदो आनी सुवेवस्था सांबाळूंक शासकीय कायदे, नियोजन आनी विकास कामाचें गिन्यान आसूंक जाय. **iii)** कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:– मराठीचें गिन्यान.

टीप: जरी शारिरीक दिव्यांगत्व आशिल्लो उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, सामान्य श्रेणीतली समान पदां रीक्त दवरतले.

गट विकास अधिकारी (Block Development Officer) .....10 पदां (5 - पदां अनारक्षीत 2 - पदां हेर मागास वर्गीया खातीर आरक्षीत, 2 - पदां अनुसुचीत जाती खातीर आरक्षीत, 1 – पद अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्यांक (ईडब्ल्यूऍस) खातीर आरक्षीत) 10 पदांतली 1 पद शारिरीक दिव्यांगत्व आशिल्ल्या खातीर आरक्षीत (दृश्टीहीन आनी कमी नदरेची विकलांगताय)

वेतन श्रेणीः मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें) **पिरायः** 45 वर्सां परस उणी.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :

आवश्यक – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा तत्सम खंयचेय शाखेंतल्यान पदवी. ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:– मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा तत्सम समाजशास्त्र /समाज कार्य हातूंत पदवी ii) मराठीचें गिन्यान.

टीप: जरी शारिरीक दिव्यांगत्व आशिल्लो उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, सामान्य श्रेणीतली समान पदां रीक्त दवरतले.

II. तांत्रीक शिक्षण संचालनालय

सरकारी तंत्रनिकेतनांत प्राचार्य (Principal in Government Polytechnic) .....1 पद (हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत)

वेतन श्रेणीः सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 14 प्रमाणें **पिरायः** 50 वर्सां परस उणी.

आवश्यक – (i) अभियांत्रिकी /तंत्रगिन्यानांत योग्य ते शाखेची पयले श्रेणीतल्यान पदवी आनी पदव्युत्तर पदवी वा पदवी आनी पदव्युत्तर पदवी स्तराचेर एक तर तत्सम आनी अभियांत्रिकी /तंत्रगिन्यानांत संबंदीत विशयातल्यान पीएॅचडी वा तत्सम.

वा

अभियांत्रिकी /तंत्रगिन्यानांत योग्य ते शाखेची पयले श्रेणीतल्यान पदवी आनी पदव्युत्तर पदवी वा पदवी आनी पदव्युत्तर पदवी स्तराचेर एक तर तत्सम.

ii) शिकोपांत/संशोधनांत/उद्देगांत उण्यांत उणो धा वर्साचो संबंदीत अणभव जातूंतल्यान उण्यांत उणीं तीन वर्सां विभाग मुखेल्याच्या पांवड्यार वा तत्सम काम केल्लें आसूंक जाय.

टीप: वयल्या उद्देशा खातीर, "योग्य ती शाखा/ योग्य ती विशेशताय" म्हणल्यार जे शाखेंत/विशेशतायेंत पद भरपाचें आसा वा ज्या विशयांचो आसपाव आसा अशे हेर शाखेंत/विशेशतायेंत जंय समानतेचें प्रात्यक्षीक पुरावे आसात.

(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक – मराठीचें गिन्यान.

III.उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालय

नियोजन अधिकारी (Planning Officer) ....2 **पदां [1 पद हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) (7 वे फावटी)**

वेतन श्रेणी: रू .9,300-34,800+4,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय

आवश्यक – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान अर्थशास्त्र विशयांत पदव्युत्तर पदवी

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक – (i) वेवसाय वेवस्थापन विशयांत पदव्युत्तर पदवी (ii) मराठीचें गिन्यान.

IV. भौशीक भलायकी खातें

गोंय वैजकी महाविद्यालय

सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in)

(i) कार्डीयेक गुंगीशास्त्र (Cardiac Anaesthesiology) ..... 3 पदां (1- पद अनारक्षीत, 1 पद अनुसुचीत जाती खातीर आरक्षीत, 1 पद अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्यांक (ईड्ब्ल्युएॅस) खातीर आरक्षीत) (3 रे फावटी)

(ii) इंडोक्रिनॉलॉजींत (Endocrinology) ..... 1 पद (हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत (4 थे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू. 15,600- 39,100 + 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस उणी

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) राष्ट्रीय वैजकी आयोग (आदलें भारतीय वैजकी मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय / संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय/ वैजकी पदवी (डी.एम)/मास्टर ऑफ चिरूर्जिया (एम.सीएच) ची पात्रताय पदवी मेळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्थेंत खासा- विशेशतायेच्या विशयांत उण्यांत उणो एक वर्स शिकोवपाचो/ संशोधनाचो अणभव आसूंक जाय.

टीपः तीन वर्सां कालावधीची वैजकी पदवी (डी.एम.) / मास्टर ऑफ चिरूर्जिया (एम.सीएच.) च्या उमेदवारांक अणभवाची आवश्यकता ना.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:– मराठीचें गिन्यान.

2. वैजकी शास्त्रांत व्याख्यातो (Lecturer in Medicine) .... 1 पद (अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत) (8 वे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू. 15,600- 39,100 **+** 6,600**/-** (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस उणी

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :-

आवश्यक: (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवेची मान्यताय मेळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय /शिक्षणीक संस्थेंत वरिश्ठ निवासी /निबंधक/अनुशिक्षक (Tutor)/ निदर्शक (Demonstrator) म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत उण्यांत उणो 3 वर्सां शिकयल्ल्याचो अणभव आसूंक जाय.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:- मराठीचें गिन्यान.

II. उच्च शिक्षण संचालनालय

गोंय संगीत महाविद्यालय

सहाय्यक प्राध्यापकः हार्मोनियम वादक

(Assistant Professor in Harmonium) .....**1 पद (** 5 वे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) पदव्युत्तर पदवी पांवड्यार बऱ्या शिक्षणीक वावरा सयत संबंदीत विशयांत 55% गूण वा तत्सम श्रेणींत भारतीय विद्यापिठांतल्यान वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी.

(ii) सहाय्यक प्राध्यापकाचे नेमणुकी खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (ऍनईटी)/राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (ऍसईटी) सक्तिची आसतली अशे तरेन, विद्यापीठ अनुदान आयोग नियमन 2009 चें मान्यतायेन (पीएच.डी पदवी मेळोवपा खातीर किमान प्रमाणन आनी प्रक्रिया), पीएच.डी पदवी प्रदान केल्ल्या उमेदवारांक, महाविद्यालयांत तत्सम स्थान वा सहाय्यक प्राध्यापकाची नेमणूक आनी भरती खातीर NET/SETची किमान पात्रताय अटीचे आवश्यकतायेची सूट दितले. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक - (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा ऍम. फील. (ii) मराठीचें गिन्यान